Akashvani Panaji

National bulletin

24 april 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहाराक भेट दितले आनी मधुबनी हांगा राष्ट्रीय पंचायती राज दीस मनोवपा खातीर कार्यावळींत वांटो घेतले.ह्या निमतान 13 हजार 480 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें बुन्यादी फातर बसोवन ते उक्तावण करतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले. ह्या प्रकल्पांत रेल्वे आनी वीज क्षेत्र हांचो आस्पाव जाता. ह्या भेटी वेळार मधुबनींत जावपी कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगां वार्विं चार रेल्वे, तीन रेल्वे मार्ग आनी दोन रेल्वे ओव्हर पुलांकी बावतो दाखयतले .प्रधानमंत्री जयनगर ते पाटना आनी सहरसा ते मुंबयच्या लोकमान्य तिलक टर्मिनसा मदल्या अमृत भारत एक्सप्रेस हांचे मदल्या नमो भारत रॅपिड रेल्वेक बावतो दाखयतले . सुपौल ते पिपरा, हसनपूर ते बिथान आनी खगड़िया-अलौली हांचे मदली रेल्वे मार्गूय ते राष्ट्राक समर्पित करतले . ह्या प्रकल्पांक लागून जोडणी सुदारतली आनी वाठाराची समाजीक-आर्थीक उदरगत जातली.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मधुबनी सावन बिहार आनी देशांतल्या लोकांक जायत्यो भेटवस्तू भेटयतले. पंचायती राज दिसा ते पंचायतींक सशक्त करपा खातीर जायते उपक्रम सुरू करतले आनी पंचायत वाठारांतल्या नवनिर्माणा खातीर मुखिया आनी सरपंचांक पुरस्कार दितले. मिथिला प्रदेशाचें म्हत्व दाखोवपी ह्या पुरस्कारांत मधुबनी चित्रांची खासा तयार केल्ली छापूय आसतली.दीनदयाल उपाध्याय ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशनाच्या अंतर्गत दोन लाख आप मजत गटां मदीं 930 कोटी रुपयांची मजत निधी प्रधानमंत्री मोदी वांटून दितले. तशेंच वीज क्षेत्रांत बिहाराक आदार दिवपा खातीर 6200 कोटी रुपयांचीं जायतीं येवजन्यांक चालिक लायतले .प्रधानमंत्री गोपाळगंजांतल्या हथुआ हांगा 340 कोटी रुपयाचा खर्चान एलपीजी प्लांटाची बुन्याद घालतले. ग्रामीण लावार्थ्यां खातीर पीएम आवास येवजणे खाला ते 15 लाख आनी 10 लाख लोकांक हप्त्याची मजत दीतले . तशेंच शार आनी गांवगिऱ्या वाठारांतल्या एक लाख 50 हजार लावार्थ्यांक बांदिल्लीं घरां दितले. पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्यांत दुख्ख उक्तायतना ही पुराय कार्यावळ साध्य सुरळीतपणन जातली.

---

जम्मू-काश्मीरांतल्या पहलगाम हांगा पाकिस्तानांतल्या लश्कर-ए-तय्यबाच्या आघाडी संघटनेच्या केल्ल्या हल्ल्यांत पर्यटन थळार पर्यटकांक मरण आयलें. संयुक्त राश्ट्रांचे सरचिटणीस आंतोनियो

गुटेरेस हाणी खर निशेध केला. खंयचेय परिस्थितींत नागरीकांचेर हल्लो करप मान्य ना हांचेर तांणी भर दिलो. गुटेरेसान मरण आयिल्ल्या लोकांच्या दुख्खी कुटुंबांक काळजा थावन सातवन केला अशें सरचिटणीसाचे प्रवक्ते स्टीफन दुजारिक हांणी सांगलें.

---

पॅहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याच्या फांटभुंयेर सरकारान आयज सर्वपक्षीय बसका आपयल्या. संसदेत सांजेच्या ६ वरांचेर ही बसका जातली अशें सुत्रांनी सांगलां.

---

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत भारतान सिंधू उदका कबलात, १९६० स्थगीत करप आनी तपासणी चौकी, अट्टरी रोखडेंच प्रभावीपणान बंद केल्या . सुरक्षा मंत्रीमंडळ समितीन काल सांजवेळा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या निवासस्थानी जाल्ले बसकेंत सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी सगल्या दळांक जागृताय दवरपाचो निर्देश दिला. नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना विदेश वेव्हार सचीव विक्रम मिसरी हांणी ही म्हायती दिली.

---

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या वेळार गोळीबार जाल्ल्या स जणांच्या कुटुंबांक पांच लाख रुपया अर्थीक मजत दिवपाची घोशणा महाराष्ट्रा सरकारन केल्या. तशेंच ह्या घडणुकेंत जखमी जाल्ल्यांक पन्नास हजार अर्थीक मजत दितले अशें मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी सांगलें. मुंबयंत पत्रकारां कडेन उलयतना मुखेलमंत्री फडणवीस हाणी म्हणलें कि , आतंकवादांचा ह्या भयानक कृतीक ख्यास्त भोगाची पडटली आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोद घेवन ताचो प्रतिकार करतले अशें तांणी सांगलें.

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मुंबयच्या मुंबय प्रदर्शन केंद्रांत ‘इंडिया स्टील-2025’ ह्या आंतरराष्ट्रीय STEEL कार्यावळीचें उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री मोदी ह्या प्रिमियर स्टील इंडस्ट्री कार्यावळीक व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान मार्गदर्शन करतले. तीन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शनांत आनी परिशदेंत संवसारीक स्टील मोल साखळींतल्या मुखेल भागधारकांक एकठांय येवन ह्या क्षेत्राच्या फुडाराचेर ते चर्चा करतले. ह्या परिशदेंत मुखेलमंत्री आनी केंद्रीय मंत्री सयत वेगवेगळ्या केंद्रीय मंत्रालयां आनी राज्यांचे उच्च पांवड्यावेले हाजीर आसतलले . तातूंत महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री - देवेंद्र फडणवीस, छत्तीसगढचे मुखेलमंत्री - विष्णु देव साई आनी ओडिशाचे मुखेलमंत्री - मोहन चरण माझी हांचो आस्पाव जाता. केंद्रीय मंत्र्यां मदीं एच डी कुमारस्वामी, पीयूष गोयल, अश्विनी वैष्णव, प्रल्हाद जोशी, जी किशन रेड्डी आनी भूपति राजू श्रीनिवास वर्मा ह्या कार्यावळीत वाटो

घेतले. ह्या परिशदेंतल्यान आंतरराज्य आनी आंतरराष्ट्रीय सहकार्याची नवी संद उक्ती जातली, गिन्यानाचे आदान-प्रदानाक सुविधा मेळटली आनी तिख्या मोल साखळींतल्यान वेवसाय करपाची सोय वाडोवपाचो हेतू आशिल्ले भारताचे धोरण सुदारणा आनी मुळाव्या साधनसुविधा उपक्रमांचें प्रदर्शन जातलें .

---

संवसारीक भलायकी संघटणा who न केल्लो संवसारीक लसीकरण सप्तक 2025 आयच्यान संवसारभर सुरू जातलो. सप्तकभर चलपी ही मोहीम ह्या म्हयन्याचे 30 मेरेन चलतली. एप्रीलाच्या निमाण्या सप्तकांत संवसारीक लसीकरण सप्तक मनयतात, ताचो हेतू लसीकरणाची जिवीत वाचवपी शक्त वाडोवपाचो आसा. ह्या वर्साचो विशय "सगल्यांक लसिकरण शक्य आसा". पिराय वा सुवात पळोवन दरेकल्याक जिवीत वाचवपी लस मेळपाची खात्री करपाच्या म्हत्वाचेर हो विशय भर दिता. फाटल्या 50 वर्सांत गरजेच्या लसांनी उण्यांत उणें 15 कोटी 40 लाख लोकांचो जीव वाटावला असो दावो डब्ल्यूएचओ करता.

---

नवी दिल्लींतल्या पाकिस्तानी उच्च आयोगांतल्या संरक्षण/लश्करी, नौदल आनी हवाई सल्लागारांक Persona Non-Grata जाहीर करून एका सप्तकांत भारत सोडपाक सांगिल्ल्याची म्हायती विदेश ववचार सचीवान दिली. इस्लामाबादांतल्या भारतीय उच्चायोगांतल्यान भारत आपले स्वताचे संरक्षण/नौदल/हवाई सल्लागार फाटीं घेतले . त्या त्या उच्च आयोगांतलीं हीं पदां रद्द जाल्लीं मानतात अशें मिश्री हांणी सांगलें. विदेश वेव्हार सचीवानी सांगला कि , 1 मे मेरेन आनीक उणावा वरवीं उच्चायुक्तांचो एकंदर आकडो सध्याच्या 55 परस 30 मेरेन देंवतलो.

---

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या 5 दिसांत वायव्य भारतात उश्णतायेची ल्हारां पाताळपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्याचा म्हणण्या प्रमाण अस्तंत मध्य प्रदेश, अस्तंत राजस्थान, पंजाब, हरियाणा, दिल्ली आनी उदेंत राजस्थानात ह्या म्हयन्याचे 29 तारखे मेरेन उश्णतायेची ल्हारांची पाताळटली . उत्तर प्रदेश, विदर्भा, बिहार, ओडिशा, झारखंड, छत्तीसगड आनी अस्तंत बंगाल सयत मध्य आनी उदेंत भारतांतय अशीच परिस्थिती ह्या म्हयन्याचे 26 तारखे मेरेन उरतली. मजगतीं, फाल्यां मेरेन उदेंत भारतात आनी फुडल्या 7 दिसांत वायव्य भारतात चडांत चड तापमान 2 ते 3 अंश celcius वाडपाची शक्यताय आसा.

---

दुसरी आशिया योगासना सर्त फाल्यां सावन नवी दिल्लीतल्या इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमाचेर सुरू जातली. तीन दिसांची ही सर्त २७एप्रिल मेरेन चलतली. सुमार २१ देशांतले १७० खेळगडे हे सर्तींत वांटो घेतले. तशेंच कितलेशेच प्रशिक्षक आनी हेर अधिकारी हे सर्तीक हजर रावतले. संवसारीक पांवड्यार योगासनाक एक उंचायेचें स्थान निर्माण करून दिवपाच्या हेतान ही सर्त आयोजीत करतात. संवसारीक योगासनाचे सरचिटणीस डॉ. जयदीप आर्या हांच्या म्हणण्या प्रमाण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संवसारीक पांवड्यार योग पावयलो आनी आतां ताका खेळाचो दर्जो फावो जाला.